प्रादेशिकखबरो

09.05.2025

@ 7.20 pm (7.45)

हवाई हल्लो जावपाची शिटकावणी दिवपी सायरन वाजलो आनी ब्लॅकआऊट जाहीर केलो जाल्यार सामान्य लोकांनी आनी प्रशासकीय यंत्रणेन कशे वागचे हे खातीर मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत.

सुरक्षेच्या कारणा खातीर पुराय गोंयांत ड्रोन वा हेर कसलेय यंत्र/वाहन हवेत हुबोवपाक बंदी लागू करपी आदेश  जिल्हाधिकाऱ्यान जारी केला.

गोंय वीज खात्यान फुडल्या तीन वर्साखातीर लायटीच्या बीलात 3.88 ते 5.9 टक्क्यांनी वाड करपाचो प्रस्ताव मांडला

काल रातीं पाकिस्तानान सुमार 400 ड्रोन वापरून  36 सुवातींनी घुसपाचो यत्न भारतीय सशस्त्र दळान निकामी केले

----------

दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी ॲग्ना क्लीटस हांणी हवाई हल्लो जावपाची शिटकावणी दिवपी सायरन वाजलो आनी ब्लॅकआऊट जाहीर केलो जाल्यार सामान्य लोकांनी आनी प्रशासकीय यंत्रणेन कशे वागचे हे खातीर मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत..नागरी संरक्षण नेम आनी राष्ट्रीय नागरी संभाव्य घडणूक प्रोटोकला प्रमाण सगळें विभाग, थळाव्यो संस्थां, आपतकालीन सेवा आनी लोकांनी हवाई हल्लो वा ब्लॅकआऊट आदेशा वेळार एसओपी नेमाक पाळो दिवपाक जाय. हवाई हल्लो शिटकावणे खातीर सायरन वाजयतात  आनी अशा वेळार सगळी खबरदारी घेवपाची गरज आसता. धोको पयस जाल्या उपरांत दोन मिनटा हुटिंग सायरन वाजयतात आनी सामान्य वेव्हार सुरू जाता.  अलर्ट आसत जाल्यार लोकांनी सुरक्षीत निवारो, सुवात वा सुरक्षीत चर वा हेर सुरक्षीत सुवतेचेर वचपाक जाय. जर सुरक्षीत निवाऱ्या मेरेन वचप शक्य नासत जाल्यार घरातच जनेल आनी भितरल्या वण्टी पासून

पयस रावचे आनी शांतता राखची, कारण नासतना फोनाचो वापर करचो न्हय , जेणे करून इमर्जन्सी संपर्का खातीर नेटवर्क उकते उरतले.ब्लॅकआऊट उपायांखातीर भितरल्यो आनी भायल्यो सगळ्यो लायटी बंद करच्यो वा उजवाड भायर दिसचो न्हय हे खातीर दाट कपडो वा हेर वस्तून पुराय धापच्यो, जनेलां आनी उकती सुवातय धापून घेवची. येरादारी बंद दवरची वा लायटीचो वापर करचो न्हय. सुरक्षीत सुवात वा थळार थांबचे, खाजगी वाहनाच्यो लायटी बंद करून रस्त्याभायर पार्क करची.अशा वेळार सगळ्यो आपतकालीन सेवा चालू आसतल्यो आनी अशा सेवां खातीर बॅकअप पावर आनी इमर्जन्सी लायटीची सोय आसतली. सगली भिरांत सोंपली हे घोषित करपी ग्रीन सिग्नल सायरन अधिकृतपणान जारी जाय मेरेन वयले सगळे उपाय चालू दवरचे. मदल्या काळात कसलेंय लुकसाण वा जिवितहानी जाली जाल्यार ताची म्हायती रोखडीच लागींच्या नागरी संरक्षण प्राधिकरणाक वा जिल्लो दंडाधिकाऱ्याच्या नियंत्रण कक्षांत कळोवची अशें ह्या आदेशात म्हळां.

मजगती सुरक्षेच्या कारणा खातीर पुराय गोंयांत ड्रोन वा हेर कसलेय यंत्र/वाहन हवेत हुबोवपाक बंदी लागू करपी आदेश दक्षीण गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान जारी केला. आंतरराष्ट्रीय शिमेचेर वाडत आशिल्ल्या तणावाक लागून आनी अंतर्गत सुरक्षा, मुळाव्या साधनसुविधा संवेदनशीलता आनी नागरिक सुरक्षेक वाडत आशिल्लो धोको निर्माण जाल्ल्यान गोंयांत ड्रोन आनी हेर मनीसविरयत हवाई उड्डाण यंत्रांच्या वापराचेर हो निर्बंध जारी केला.

मात कायद्याची अंमलबजावणी, संरक्षण दळ, आपत्ती वेवस्थापन कार्यावळींत वांटो घेवपी सरकारी एजन्सी वा संघटना वा जिल्लो दंडाधिकारी, पुलीस कर्मचारी आनी हेर सरकारी अधिकारी तसेच अधिकृत कर्तव्या कडेन ड्रोन वापर संबंदीत आसल्यार सुरक्षा एजन्सी कडल्यान आदींच लेखी मान्यताय मेळिल्ल्या संघटनांक वयलो आदेश लागू जावचो ना अशें ह्या आदेशात म्हळां. ह्या आदेशाचो भंग करपी लोकां आड गुन्यांवकारी केस भारतीय न्यायीक संहिता, 2023 च्या कलम 223 आनी अमेरिकेचे नेम, 2021 च्या संबंदीत तरतुदी खाला बेगोबेग कारवाय जातली.

भारतीय नागरी सुरक्षा संहिता, 2023 च्या कलम 163 खाला जारी केल्ल्या आदेशाचें उल्लंघन जालां हाची खात्री करपाचो आनी उल्लंघन करप्यां आड पुलीस स्टेशनांत

एफआयआर दाखल करून संबंदीत न्यायालयीन दंडाधिकाऱ्या मुखार कागाळ दाखल करपाचो अधिकार सगळ्या उपजिल्हो दंडाधिकाऱ्यांक आनी उपविभागीय दंडाधिकाऱ्यांक आसतलो अशे आदेशात म्हळां.

गोंय वीज खात्यान फुडल्या तीन वर्साखातीर लायटीच्या बीलात 3.88 ते 5.9 टक्क्यांनी वाड करपाचो प्रस्ताव आयज पणजे इन्सटीट्युट मिॅनेझीस ब्रागांझा सभाघरात संयुक्त वीज नियामक आयोगान घेतील्ल्या भौशीक सुनावणेवेळार गोंय वीज खात्यान मांडला.ह्या सुनावणेक राजकीय पक्षाचे प्रतीनीधी,तशेंच बिगर सरकारी संस्थाचे प्रतीनीधी,उद्देगीक मळावेले जाळवणदार तशेच वीज गिऱ्हायक हाजीर आशील्ले.फाटल्या तीन वर्सात वाज पुरवणीत 10-12 % वाड जाल्या.गोंय राज्य वीज निर्मिती करीनात,वीज भायल्या राज्यातल्यान विकती घेता,वीजेचे मोल वाडील्ल्यान वीज गिऱ्हांयकांखातीर वीज दरात वाड करची पडटली, आयोगान ह्या प्रस्तावाक मंजुरी दील्यार ही वाड जुन म्हयन्यासावन लागु जातली अशी म्हायती chief electrical engineer stephen fernandes हांणी दील्या.

भारत आनी पाकीस्तान हांचेमदी सध्या सुरू आशील्ल्या परीस्थीतीच्या फांटभुयेर खबरदरीकहो उपाय म्हणून मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज वरीश्ठ पुलीस अधिकाऱ्यावांगडा तशेंच सुरक्षा यंत्रणेक पणजे तांच्या निवासस्थानाचेर खासा बसका घेवन अंतर्गत सुरक्षा घटमुट करपाचो तशेंच सर्तक रावपाचो आदेश ह्या अधिकाऱ्यांक दीला. हे शीवाय बंदर कप्तान खात्यान नुस्तेमारी करपी रापणकारांक नुस्तेमारीखातीर आखुन दील्या राज्य पांवड्यावेल्या दर्याच्या उदकाच्या शीमे भितरूच म्हणल्यारूच 12 nauticles अंर्तगत नुस्तेमारी करची ,शीमेभायर वच्चे न्ही असो आदेश दीला.नुस्तेमारीखातीर जर नवो कामगार घेतला आसत जाल्या ताचे ओळखपत्र नोंदणी करप ,नुस्तेमारी करपाक वतना नुसतेमारी करपाचो पास घेवप खरपणान सक्तीचे केला तशेंच जेटीचेर वा दर्यात जर दुबावीत हालचाली नदरेक

आयल्यो जाल्यार त्यो रोखड्योच बंदर कप्तान खात्याक कळीत करचे अशे अशेय ह्या आदेशात म्हणला.

मडगाव पालिकेन तयार केल्ल्या स्वत:चे व्हेबसाईटीचे आयज मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांच्यो हस्तुकी उक्तावण जाले. गोवा इलेक्ट्रॉनिक लिमिटेड ह्या आस्थापनाच्या आदारान  तयार केल्या  हे व्हेबसाईटीवरवीं लोकांक प्रभावी आनी बेगोबेग सेवा उपलब्ध करुन दिवपाखातीर मडगाव पालिकेन प्रयत्न करचो अशें ह्यावेळार कामत हांणी सांगलें. ह्यावेळार मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार, उपनगराध्यक्ष बबिता नायक हेर नगरसेवक हाजीर आशिल्ले.. ह्या व्हेबसाईटी वयल्यान मडगावच्या लोकांक घरा बसून पालिकेच्यो सेवा उपलब्ध करुन घेवप शक्य जातले अशें नगराध्यक्ष शिरोडकार हांणी सांगलें. तंत्रज्ञान हो आजच्या युगाचो मंत्र आर्विल्ल्या तंत्रज्ञानाची कास धरिल्ल्या खातीर भारत एक बळीश्ट शक्त जाला  अशें म्हनुन  कामत हांणी भारतीय सेनेचे तसेच प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी  हांचे अभिनंदन केले.

विवेकानंद विद्यालयाचो एक साहसी उपक्रम. 17 भुरगीं मांडोवी पार करतली. स्वामी विवेकानंद विद्यालय बोरी शिक्षणीक, कला, खेळां मळार नांव जोडटा आनी विद्यार्थ्यां खातीर सगळेंच पुरवण करपाचें धोरण आपणायता. फाल्या 9.30 वरांचेर रायबंदर मॅनेजमेंट कॉलेजी लागसार मांडोवी न्हंय ही भुरगे हुंपतले. ह्या वेळार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत आनी मोलबियो कंपनीचे वित्त वेवस्थापक संदीप खरे. बोरी पंचायतीचे आदले सरपंच आनी सध्याचे पंच सतीश नायक हाजीर आसतले.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत 12 मे क सकाळी 10.00 वराचेर दिवचले सरकारी कार्यालय प्रकल्पाच्या बांदकामा खातीर बुन्यादी फातर बसयतले. महसूलमंत्री

आतानासियो मोन्सेरात, इन्फोटेक म्हामंडळाचे अध्यक्ष आमदार डॉ. चंद्रकांत शेट्ये, जीएसआयडीसीचे उपाध्यक्ष आमदार केदार नाईक, गोंय राज्य बागायत म्हामंडळाचे अध्यक्ष आमदार प्रेमेंद्र शेट, दिवचलचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर आनी हेर मानेस्त कार्यक्रमाक उपस्थित रावतले.

Sbi foundation , Seed आनी aspire for her हांच्या जोडपालवान आयज गोयच्या बायलांक सक्षम करपाखातीर सशक्ती एंन्टरप्रिनारी हो उपक्रम pilot project म्हण चालीक लायला,गोंयचे खाणा जेवणाचे जिन्नसाचे पदार्थ करपी बांयलांक तांच्या खाद्यपदार्थांक वेवसायीक तशेंच हेर वस्तु तयार करपी बायलांक माची दीवन तांका सक्षम करपाच्या हेतान हो उपक्रम चालीक लायला अशी म्हायती sbi foundation चे वेवस्थापकीय संचालक sanjay prakash हांणी दील्या. CSR माध्यमावरवी देशभरात हो उपक्रम Sbi foundation चालीक लावपाचे आसात.जाल्यार ह्या उपक्रमाची सुरूवात गोंय राज्यातल्यान केल्या. गोयांत सध्या 3500 आप मजत गट असात,हातुल्ले 8% गट बारीक सारीक वेवसाय करतात,पुण 60% बायलाचे आप मजत गट आजुनुय असंघटीत आसा अशी म्हायती ह्यावेळार मानेस्तांनी दिली

काल रातीं पाकिस्तानान सुमार 400 ड्रोन वापरून लेह ते सिरक्रीक मेरेनच्या 36 सुवातींनी घुसपाचो यत्न केलो. भारतीय सशस्त्र दळान ह्या ड्रोनांतले बरेचशे ड्रोन कायनेटिक आणि नॉन-कायनेटिक पद्धतीन निकामी केले अशी माहिती नवी दिल्लींत जाल्ले खाशेले परिशदेंत भारतीय लश्करी कर्नल सोफिया कुरैशी हांणी दिली पाकिस्तानाच्या हल्ल्याक जाप दितना पाकिस्तानांतल्या चार हवाई संरक्षण सुवातींनी भारतीय सशस्त्र ड्रोन घाले आनी तातूंतल्या एका ड्रोनान एक रडार नश्ट करपाक येस मेळयलें अशी म्हायती विंग कमांडर व्योमिका सिंग हाणी दिली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज पोप लियो xiv हांकां भारतांतल्या लोकां वतीन शुभेच्छा दिल्यात . सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी म्हणला की पोप लियो xiv हांणी कॅथलिक इगर्जेचें फुडारपण अशा वेळार हातात घेतला , जेन्ना शांतताय, एकचार, भावपण आनी सेवा ह्या आदर्शांक चालना दिवप खूब म्हत्वाचें आसा

टागोर

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी गुरूदेव रवींद्रनाथ टागोर हांच्या जयंती दिसा श्रद्धांजली ओपली.भारताच्या साहित्यीक आनी संस्कृतीक आत्म्याक आकार दिवपी गुरूदेव रवींद्रनाथ टागोराचो मोगान स्मरण करतात अशें मोदी हांणी सांगलें. तशेच प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी धाडसी झुजारी महाराणा प्रतापाच्या जयंती दिसा श्रद्धांजली ओपली. भारत मातेक समर्पीत केल्लें महाराणा प्रतापाचें पराक्रमी जिवीत सदांच देशांतल्या लोकांक प्रेरणा दितलें.अशे ताणी म्हणला.